# स्मार्ट सिटी येवजणेखाला पणजी शाराचो विकास

ता. 27 ऑगस्ट 2018

5 श्रावण 1940

भारत सरकाराच्या शार उदरगत मंत्रालयान स्मार्ट सिटी येवजणेखाला 2016 वर्सा निवड केल्ल्या 13 शारांमदी पणजी शाराचो आसपाव जाल्लो आनी तेन्नासावन पणजी शाराच्या विकासाखातीर वेगवेगळयो येवजण्यो आनी प्रकल्पांची अंमलबजावणी सुरू करून पणजी शार स्मार्ट सिटी करपाचे प्रयत्न चालू आसात. स्मार्ट सिटी येवजणेखाला देशातल्या वेगवेगळया शारांची निवड जाल्ली आसली तरी हेर शारापरस पणजी शारात वेगवेगळया विकास प्रकल्पांची कामां नेटान चालू जाल्ली आसा आनी आयज पणजी शार हे देशातल्या हेर शारांखातीर आदर्श उदाहरण जावन आसा. इमॅजिन पणजी स्मार्ट सिटी डेव्हलपमेंट लि. चे वेवस्थापकीय संचालक आनी मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्री. स्वयंदिप्त पाल चौधरी हांणी पणजी स्मार्ट सिटी येवजणेची सविस्तर माहिती दिली.

पणजी शाराक उत्कृश्ट कामांखातीर भारत सरकाराकडल्यान पुरस्कार फावो जाला. राज्याचे राजपाठण शार आशिल्ल्या पणजी शाराक इनोव्हेटीव आनी उत्कृश्ट कार्य पध्दतीक लागून स्वच्छ सर्वेक्षण पुरस्कार फावो जाला. पणजी शार देशातले आदर्श शार करपाखातीर विकास प्रक्रियेत सगळया थरातल्या लोकांचे सहकार्य म्हत्वाचे आसा, अशें चौधरी हांणी सांगले.

इॅमेजिन पणजी स्मार्ट सिटी डेव्हलपमेंट लि.चे संचालक श्री. सिध्दार्थ कुंकळ्येकर सांगतात, पणजी स्मार्ट सिटी संकल्पना अंमलात हाडपाखातीर अनेक बसकां घेवन लोकांवांगडा विचारविनिमय केला आनी हया फुडेंय अशों बसकां नेमान जातल्यो. शारातल्या प्रत्येक नागरीकांच्या फायद्याखातीर आवश्यक सुविधां निर्माण करपाचेर आमचो भर आसा. सांगपाचेच जाल्यार, दिव्यांगासयत सगळयांखातीर सोयिस्कर अशें फुटपाथ बांदपाची आमची येवजण आसा.

पणजी शारातल्या मुळाव्या सुविधांनी सुदारणा करपाची चड गरज आसा. आमका न्हय फकत भौशीक सुवातांचे सुशोभिकरण करपाचे आसा, जाल्यार सामान्यातल्या सामान्य मनशाच्यो गरजो पूर्ण करपाचेर आमचे प्राधान्य आसतले. आमकां लोकांक जाय तितले उदक, सुरळीत वीज पुरवण करपाक जाय. पणजी शार खास करून बायलां-भुरग्यांक आनी जाण्टेल्यांक सुरक्षित शार करपाक जाय. आमका कोयराचो योग्य तरेन व्हिलो लावन पणजी नितळ शार करपाक जाय.

जर मुळाव्यो साधनसुविधा जाग्यार घातल्यो ना जाल्यार पणजी स्मार्ट सिटी जावप शक्य ना, हे श्री. चौधरी मान्य करतात. पूण तांच्या मताप्रमाण स्मार्ट सिटी खातीर ज्यो सुविधां आवश्यक आसात, त्यो नियम आनी सोपस्कारांक पाळो दिवन पूर्ण करपाक तांचे प्रयत्न चालू आसात. स्मार्ट सिटी येवजणेखाला विकास कामां करतना अनेक वेळा लोक आमका प्रस्न करतात, की शारातली गटार वेवस्था सुदारपाखातीर कित्ये उपाय केल्यात काय म्हुण? आनी हे

खरे आसा, पणजी शारात गटार वेवस्थेची एक मोठी समस्या आसा आनी ती सुदारपाक आमचे प्रयत्न आसा आनी लोकांकडल्यान त्याखातीर सहकार्याची गरज आसा. स्मार्ट सिटी संकल्पना साकार करपाखातीर सरकार, खाजगी संस्था आनी लोकांचेय सहकार्य म्हत्वाचे आसा.

स्मार्ट सिटी म्हळयार कित्ये ? हे बाबतीत अनेक गैरसमजय आसात आनी तशे पळोवक गेल्यार स्मार्ट सिटी संकल्पनेबाबतीत वेगवेगळे तरेन अर्थ काडपाक जाता. स्मार्ट सिटी म्हळयार शारात रावपी लोकांच्या जीणेचो दर्जो वाडोवपाक आवश्यक सोयीसुविधा उपलब्ध करप. साधन सुविधांनी तंत्रज्ञानाचो वापर करून लोकांची जीण सुखी-समाधानाची करप. उदाहरण सांगपाचेच जाल्यार, तुमी आयकून अजापीत जातले, पणजी शाराक दिसातल्यान 310 एलपीसीडी उदका पूरवण जाता, पूण राष्ट्रीय पातळीचेर उदका पूरवण आनी वापराचे सरासरी प्रमाण 135 आसात, तुमका सांगपाचे म्हळयार पणजी शारात उदकाचो तुटवडो ना. पूण तरी आसतना लोकांक आजून टँकराच्या उदकाचेर निंबून रावचे पडटा. हाचोच अर्थ खंय तरी उदकाचे वाटप सारखे जायना आनी त्याखातीर उदकाचो तुटवडो आसा म्हणप योग्य जावचे ना. ज्या लोकांक उदकाची गरज आसा तांका ती जाय ते प्रमाण जायना, असो ताचो अर्थ जाता. त्याखातीर भौशिक उदका पूरवण खात्याच्या अधिका-यांनी उदकाची चोरी वा गळटी जाता काय कित्ये हांचो सोद घेवपाखातीर तंत्राचो वापर करचो पडटलो. तेन्नाच स्मार्ट सिटी खातीर आवश्यक आशिल्ल्यो गरजो जाग्यार पडपाक शकतल्यो.

पणजी शार स्मार्ट सिटी करपाच्या संकल्पनेचो एक म्हत्वाचो भाग म्हळयार शारातल्या वारशाचे जतन करप. वारशाचे बाबतीत पणजी शार देशातल्या हेर शारांपरस वेगळे आसा. गोंय राज्याच्या राजधानी पणजी शार सौंदर्याच्या बाबतीत खूप वेगळे आसा. श्री. चौधरी हांणी दिल्ले माहितीप्रमाण स्मार्ट सिटी करप म्हळयार न्हय फकत बदल करप वा काँक्रिटाच्यो इमारती वा बांदकामा उबारप. स्मार्ट सिटीची संकल्पना ही शारातल्यो वारसो आनी इतिहासाचे जतन करून तंत्रज्ञानाच्या वापरातल्यान पोशक वातावरण निर्माण करपाचेर भर आसा. गोंयचो मुळ वारसो आनी परंपरेचो सांबाळ करप म्हत्वाचे आसा.

स्मार्ट सिटी येवजणेखाला केल्ल्या विकास कामांचेर उजवाड घालतना श्री. कुंकळ्येकर सांगतात, शारात मध्यवर्ती वाठारात आशिल्ल्या आनी इतिहासिक म्हत्वाच्या आझाद मैदानाचे सुशोभिकरण पूर्ण जाला. मळा वाठारातलो अंतर्गत रस्तो आनी भौशिक जाग्याचेर सुदारणा केल्या मळा वाठारात वास्तूकलेचो वारसो आशिल्ली घरा एकामेकाक तेकून आशिल्ल्यान जमनी पोंदच्यान सेवा-सुविधा उपलब्ध करच्यो पडल्यो. नवीन फुटपाथ बांदपाचे, रोशणाय, तशेंच बसपाक बाक घालपाची कामा केल्यात आनी म्हत्वाचे म्हळयार पाटो-मळा पूल बांदून पूर्ण जाला आनी हो पूल फोन्तेन्हास-मळा वाठारातल्या रस्त्याचेर खास करून शाळां सुटपाच्या वेळार जावपी येरादारीची गर्दीची समस्या सुटपाक उपेगी थारला.

स्मार्ट सिटी येवजणेखाला वेगवेगळे प्रकल्प साकार करपाखातीर तज्ञ सल्लागारांची सेवा घेतल्या आनी सांगपाचे म्हळयार हे सल्लागार चड करून गोंयचेच आसात जांका गोंयचो वारसो आनी इतिहासाची माहिती आसा. सल्लागार प्रशिक्षित आनी कुशळ आशिल्ल्यान प्रकल्प वेळार पूर्ण जावन खर्चाची बचत जावपाक मदत जाता. तशेंच जाय तेन्ना तांची सेवा उपलब्ध जाता.

शारातल्या वाडटया येरादारीचेर नियंत्रण दवरप हो स्मार्ट सिटी येवजणेचो एक म्हत्वाचो भाग आसा. शारातले रस्ते वा फुटपाथांचेर लोकांक चलपाक सोयिस्कर करप ही स्मार्ट सिटीची संकल्पना आसा आनी त्याखातीर सर्वसमावेशक आराखडो तयार करून खुपशो गजाली जाग्यार घालपाचे आमचे प्रयत्न चालू आसात. सगळयो गजाली जाग्यार पडले उपरांत शारांत पार्किंगाखातीर जाय तशें जागे उपलब्ध जातले तशेंच शारात येवपी वाहनांचीय संख्या कमी जातली. शारात वाहनां पार्किंगाखातीर इमारती उबारप हो उपाय जावक शकना, जाल्यार लोकांक खाजगी येरादारी बदला भौशिक येरादारीचो वापर करपाकडेन आकर्शित करपाची गरज आसा.

शारातली स्थिती बदलपाचेर आमचो भर आसतलो. सगळीं वाहनां शारात येवची न्हय हे खातीर येवजण विचारात आसा. पूण हयो सगळयो गजाली पूर्ण जावपाक कळाव लागतलो. लोकांक शारात येवपाखातीर इको-फ्रँडली बशीं सुरू करपाचेर विचार चालू आसा. तशेंच वाटणी पध्दतीचेर प्रवासी सेवा सुरू करपाचोय विचार आसा.

अमृत येवजणेखाला शारात फुटपाथ, आल्तिनार वचपाक पाय-यो, पायपूल बांदला. कांपालार न्हंयच्या देगेक चलपाक आनी सायकलिंगाखातीर ट्रॅक आनी सुशोभिकरणाचे काम चालू आसा. मळयात खाडीच्या देगेक आशिल्ल्या मॅनग्रो झाडांनी लोकांक चलपाक लाकडी पूलन बांदला. हांगा लोकांक मॅनग्रो झाडांच्या सावळेत विरंगुळयाची सोय उपलब्ध जाल्या. स्मार्ट सिटी येवजणेखाला सगळीं उदरगतीची कामां पूराय जाले उपरांत शारांतल्या लोकांक बरो फायदो जातलो.